## मुख्यमंत्र्यांच्या हस्तुकीं नव्यान बांदलेल्या पैकुळ पुलाचे उक्तावण

ता. 10 जुलय 2023

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज भलायकी मंत्री श्री विश्वजीत राणे आनी आमदार डॉ. देविया राणे हांच्या उपस्थितीत नव्यान बांदलेल्या सत्तरी तालुक्यातल्या पैकुळ पुलाचे उक्तावण केले.

ह्या वेळार उलयताना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी येणाऱ्या काळात राज्यांत सुरू करपात येवपी विकास प्रकल्प आनी येवजणांची म्हायती दितना सत्तरी तालुक्यातल्या सावर्डे पुलाच्या बांदकामाक रोखडीच सुरवात जातली, अशें सांगून फुडल्या दोन म्हयन्यात पुलाची बुन्याद घालतले, अशें सांगलें. गोंय वैजकीय म्हाविद्यालयात मुंबयच्या टाटा हॉस्पिटलाच्या सहकार्यान रोखडीच कॅन्सर ओपीडी सेवा कुरू करतले तशेंच सगळ्यांक बरी भलायकी सेवा दिवपा खातीर सरकार सुलभ मेडिक्लेम येवजण सुरू करतले, अशी म्हायती दिली. तशेंच ग्रामीण वाठारांत मोबायल कनेक्टिव्हिटी वडोवपाखातीर टॉवर्स उबारपाक ना हरकत दाखलो दिवपाच्या प्रक्रियेत सुदारणा करतले, अशेंय तांणी सांगलें.

पैकुळ पुलाचे काम पूर्ण जावन पूल लोकांखातीर उकतो जाल्ल्या बद्दल भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी समाधान उक्तावन ह्या पुलाचो फायदो पैकुळ गांवावांगडाच पुराय सत्तरी भागातल्या लोकांक जातलो अशें सांगलें. सात्तरी तालुक्यातल्या लोकांनी सदाच एकजूट दाखयल्ली आसून तालुक्याच्या फुडल्या उदरगती खातीर लोकांनी अशीच एकजूट दाखोवची, अशें तांणी सांगलें. फॉरेस्ट सर्किट प्रकल्पय रोखडोच चालीक लायतले, अशेंय तांणी सांगलें.

सत्तरीच्या विकासाखातीर रस्त्यांची कनेक्टिव्हिटी म्हत्त्वाची आशिल्ल्याचे सांगून आमदार डॉ. देविया राणे हांणी येरादारीची सेवा सुदारपाखातीर नवीन रस्ते बांदपाची गरज व्यक्त केली. डॉ. देविया राणे हांणी पैकुळ गावांत कदंब बससेवा नियमितपणान सुरू करपाची मागणी मुख्यमंत्र्या कडेन केली. सत्तरीच्या वाठारांतली वीज आनी उदका पुरवण समस्यां सोडोवपा खातीर प्रयत्न सुरू आशिल्ल्याचेय तांणी सांगलें.

पैकुळ पुलाचे बांदकाम 19 कोटीं रूपया खर्च करून 9 म्हयन्यांच्या विक्रमी वेळेत पूर्ण केला.

पुलाच्या उक्तावण कार्यक्रमाक GSIDC चे MD हरीश अडकोणकर, GSIDC चे कर्मचारी, थळावें सरपंच, पंच आनी नागरीक उपस्थित आशिल्लें.

कार्यक्रमाचें सूत्रसंचालन श्रीमती तेजस्विनी नाबर हांणी केले जाल्यार गुळेलीचे सरपंच श्री नितेश गावडे हांणी उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/5

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.